**गोंय विकासाच्या मळार फुडारलेले राज्य – उपराष्ट्रपती**

<u>उपराष्ट्रपती कडल्यान गोंयांन मुक्तीउपरांत केल्ल्या प्रगतीची तोखणाय</u>

ता. ९ जानेवारी 2021

भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. एम. वेंकय्या नायडू हांणी गोंय राज्यान साबार मळार केल्ल्या उदरगतीची तोखणाय करू गोंय विकासाच्या मळार फुडारलेले राज्य आसा आनी गोंय per capita income आनी मानवी विकासाच्या बाबतीत उत्कृश्ट राज्य आसा. तशेंच गोंय हे देशातले एक शारीकरण जाल्ले राज्य आसा आनी सुमार 62 टक्के जनता शारी वाठारांनी रावता, अशें उपराष्ट्रपती म्हणले.

गोंय विधीकार मंच आनी विधीमंडळ खात्यान आयज पर्वरी विधानसभा संकुलांत आयोजीत विधीकार दीस सुवाळ्याक भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. एम. वेंकय्या नायडू हे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताले. गोंयांन मुक्ती उपरांत जीणेच्या प्रत्येक मळार भरीव प्रगती केल्ली आसून सत्तेर आयिल्ल्या प्रत्येक सरकाराच्या यत्नांक लागून हे शक्य जाल्ल्याचे तांणी म्हणले.

गोंयच्या सोबीतकायेचो उल्लेख करून उपराष्ट्रपतीन गोंयच्यो दर्यावेळों आनी सैम संवसारातल्या पर्यटकांक भुरळ घालतात. गोंय हे पुर्वेकडले मोती आशिल्ल्याचे नमुद करून गोंय हे पर्यटकांचे पसंदीचे स्थळ आसा, अशें तांणी म्हणले.

गोंय मुक्ती चळवळीतले स्वातंत्र सैनिक आनी फुडाऱ्यांक आर्गां ओपून आयज गोंय आपल्या मुक्तीच्या 60व्या वर्सांत पावल दवरता. तांच्या त्यागाक लागून आयज आमी आमचो फुडार घडोपाक शकल्यात, अशें श्री. नायडू हांणी म्हणले.

विधीकार दीस सुवाळ्याक गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसींग कोश्यारी, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस, विधीमंडळ वेव्हार मंत्री श्री. मॉवीन गुदिन्हो आनी विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत हाजीर आशिल्ले.

आदले आमदार आनी स्वातंत्र सैनिक श्री. रोहिदास नाईक, आदले केंद्रीय मंत्री श्री. एदुआर्द फालेरो, आदले आमदार श्री. चंद्रकांत चोडणकर, आमदार श्री. अनिल प्रभुदेसाय हांचो उपराष्ट्रपती हस्तुकीं भोवमान केलो. आदले मुख्यमंत्री आनी सभापती श्री. प्रतापसींग राणे हांचो उपरांत भोवमान करपात येतलो..

पयल्या विधानसभेचे वांगडी श्री. तिओतीन परेरा, श्री. गोपाळराव मयेंकर, आनी गजानन रायकार हांचोय  उपराष्ट्रपती हस्तुकीं मानचिन्ह भेटोवन भोवमान केलो.

राज्यपाल श्री. भगतसींग कोश्यारी हांणी विधीमंडळाच्या कार्याची तोखणाय करून लोकप्रतिनिधींनी समाजाचे योग्य तरेन फुडारपण करपा खातीर समर्पितपणान काम करपाचो उलो मारलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणले, गोंय राज्य आयज आपल्या मुक्तीचे ६०वे  वर्स मनयता. ह्या ल्हानशा राज्यांन सगळ्या मळार तोखणायेची उदरगत केल्या.

ह्या राज्यांचे मुख्यमंत्री ह्या नात्यान आपूण सामान्य लोकांच्यो समस्यां आयकुन घेवपाक तयार आसा. लोकांनी सकारात्मक विचार आनी कल्पना घेवन येवचे. सरकार लोकांच्या भावनाविशीं संवेदनशील आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

विधीमंडळ वेव्हार मंत्री श्री. मॉवीन गुदिन्हो हांणी सुवाळ्यांत उलयताना लोकांनी सरकाराक मदतीचो हात दिवपाचो आनी राष्ट्राच्या बांदावळीखातीर सकारात्मक विचार आनी संकल्पनां घेवन फुडें येवपाचो उलो मारलो.

विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत हांचेय ह्या वेळार उलोवप जोले.

सुरवातीक गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस हांणी निमाणे उपकार मानले.

कला अकादमीच्या पंगडान सोबीत म्हजे गोंय येवकार गीत सादर केले.

डॉ. दयानंद राव हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/44

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji